29 March 2025 सकाळी - 7.25

## Agriculture -

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाचे आत्मनिर्भर भारत स्वयंपूर्ण गोंय हे स्वप्न साकार करतलें जाल्यार एग्रीकल्चर, हॉर्टिकल्चर, फिशिंग, डेयरी तशेच फ्लावरी हे पाच घटक खूप महत्त्वपूर्ण आसा आनि या पाच घटकांचो वापर करून नवीन पद्धत तशेच विज्ञानिक दृष्टिकोनातल्यान जर शेती केली जाल्यार शेतकामती स्वतःची तशेच राज्याची उदरगत करूं शकता. गोय सरकार हाचे मुखार कृषी कार्डाच्या मार्फत, दर एका शेतकऱ्याक पाच लाख रुपया पर्यंत रीण दितले आनि या सगळ्या शेतकी खात्याच्या येवजण्याचो उपेग करून, चढानचढ तरणाट्यांनी शेती व्यवसायात देवचे, अशें आवाहन मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणीं केले. गोंय सरकारच्या कृषी खात्यान साखळीच्या रविंद्र भवनात आयोजित केल्या, कृषी मेळाव्यात मुख्यमंत्री उलयताले. हे वेळार त्यांचे वांगडा शेतकी खात्याचे अधिकारी तशेच हेर मानेस्त हजर आसले.

## Aparand Handicraft -

गोंय हस्तकला म्हामंडळान 31 मार्चाक 'अपरांन्त मांण्ड 2025' ह्या प्रदर्शनाचे म्हापसा देव बोडगेश्वर देवळाच्या मैदानाचेर, पाच दीस म्हणल्यार 31 मार्च ते 4 एप्रील मेरेन आयोजन केला. प्रदर्शनाचे उक्तावण सांजेच्या साडे पाच वराचेर मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी जातले, अशी म्हायती हस्तकला म्हामंडळाचे अध्यक्ष आनी पेडणेचे आमदार प्रवीण आर्लेकार हांणी पत्रकार परीशदेत दील्या. 15 वर्सा उपरांत 'अपरांन्त मांड' ह्या प्रदर्शनाचे आयोजन केला. ह्या प्रदर्शनात हस्तकला कारागीरांचे 150 वयर दालना आसतली. जाल्यार, प्रदर्शनात वाटो घेवपाक इत्सुक आशील्ल्या हस्तकारागीरनी, गोंय हस्तकला म्हामंडळाकडे संपर्क करून तांच्या वस्तु खातीर दालन मेळोव येता, प्रदर्शनात घाल्ल्या दालनाखातीर फी घेवचे ना, अशी म्हायती आर्लेकार हांणी दील्या. प्रदर्शनात गोंयचे खाणाचे जीन्नस तशेंच लोककला आनी संस्कृतायेचे दर्शन घडोवपी कार्यावळी जातल्यो. जाल्यार गुढीपाडव्याच्या शुभमुहुर्ताचेर पणजे कदंबा बस स्टेण्डांचेर

आशील्ले गोंय हस्तकला म्हामंडळाचे, अपरान्त मांडाचे नुतनीकरण केल्ल्या दालनाचे उक्तावण जातले, अशी म्हायती म्हामंडळाचे अध्यक्ष अजय गावडे हांणी दील्या.

Yuva Sansad -

प्रत्येकाकडे एक खाशेलपण आसता, हे खाशेलपण स्वत ओळखुन ताका आकार दीवन स्वतचो फुडार घडोवपाची ताक आयच्या तरणाट्यांमदी आसपाक जाय, अशे मत गोंय विधानसभेचे सभापती रमेश तवडकार व्यक्त केला. ते 'युवा सांसद' ह्या कार्यावळीत मुखेल सोयरे म्हण उलयताले. ह्यावेळार नेहरू युवा केद्राचे निमंत्रक कालीदास घाटवळ तशेंच गोंय विधानसभेचे जोड सचीव मोहन गांवकार हाजीर आशील्ले. भारत सरकाराच्या युवा व्यवहार संचालनालय, नेहरू युवा केंद्र तशेंच राश्टीय सेवा येवजणेच्या जोडपालवान ह्या कार्यावळीचे आयोजन केल्ले. युवा सांसद कार्यावळीत राज्यभरातल्या म्हाविद्यालयातल्या विद्यार्थी प्रतीनीधीनी वाटो घेतील्लो.

Education NEP -

२०२६ वर्सा सावन, धावी वर्गाच्या परिक्षांनी विषयाच्या मुळाव्या संकल्पनाचेर आधारीत प्रस्न आसतले, अशें गोंय माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक शिक्षण मंडळाचे अध्यक्ष भगीरथ शेट्ये हांणी सांगलें. फाटल्या वर्सा णवे वर्गा खातीर, एनईपी चालीक लायिल्ली, ते विद्यार्थी अंदूं धावे वर्गांत प्रवेश घेतले, अशें शेट्ये हांणी सांगलें. ते प्रमाण तांकां मातशें कठीण अशें, मुळाव्या संकल्पनाचेर आदारिल्ले प्रस्न आसतले. २०२५ म्हळ्यार ओदूं, अशे तरेच्या प्रस्नांचे प्रमाण ५ ते १०% इतलें आशिल्ले तें आता वाडून १०-१५% मेरेन वतलें. तोंड पाठ करून घोकंपट्टी आदारीत प्रस्न उणे करप, आनी लक्षांत दवरून शिकपाक प्रोत्साहन दिवपी प्रस्न वाडोवप, हो हाचे फाटलो मुखेल हेत आसा अशें तांणी सांगलें.

Sahitya Sammelan -

साहित्य मंथन सत्तरी आणि श्री सातेरी केळबाय घाडवंश देवस्थान रावण-सत्तरी यांच्या जोड पालवान शेनवार 29 आनि आयतार 30 मार्चक, चौथे ग्रामीण साहित्य संमेलन 2025 जातलें. या संमेलनाच्या उक्तावण सुवाळ्याक उद्घाटक

म्हणून पर्ये मतदार संघाची आमदार डॉक्टर देविया राणे आणि ज्ञानपीठ पुरस्कार विजेते दामोदर मावजो, कार्यवळचे अध्यक्ष म्हन हजर आसतले. दोन दिस चलपी या ग्रामीण साहित्य संमेलनात कवी संमेलन, चर्चासत्र, मुलाखती तशेच मनोरंजन कार्यावळी जातल्यो. या साहित्य संमेलनाक साहित्य मोगीनी व्हडा संखेन हजर रावचे, अशे आवाहन संस्थेन केला.

Cyber -

कंबोडिया आनी थायलंडांत एजंटां वरवीं रोजगार सोदपी लोकांनी, वेव्हार करचे पयलीं सादूर रावचें आनी आपली कागदपत्रां तपासची, असो सल्लो पुलिसांनी दिला. सायबर स्लेवरी जॉब स्कॅम प्रकरणांत, अटक केल्ल्या तिगां दुबावितां कडल्यान, नवी नवी म्हायती मेळटा म्हणून, पुलीस परदेशांत नोकर भरती करपी एजन्सीची चवकशी करतले. पोलिसांनी आदित्य रविचंद्रन, रूपनारायण गुप्ता आनी तलानिती नुलाक्सी ह्या तीगांक अटक केल्या. परदेशांत नोकर भरती करपी गोंयांत फकत 9 मान्यताय मेळिल्लीं एजन्सी आसात, अशें पुलीस महासंचालक आलोक कुमार हांणी पत्रकार परिशदेत सांगलें. हे पत्रकार परिशदेंत सायबर स्लेवरी जॉब स्कॅम प्रकरणांत गोंय पुलिसांनी केल्ले कामगिरीची म्हायती दिली.

Consumer Rights-

राज्यात गिरायक संरक्षण कायदो मजबूत करपाच्या विशयाचेर, गोंय राज्य गिरायक हक्क संरक्षण मंडळाच्या बसकेत चर्चा जाली. नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार मंत्री रवी नायक हांचे अध्यक्षते खाला पर्वरे मंत्रालयांत बसका जाली. संजीत रॉड्रिग्ज हांणी गिरायकांच्या हक्कांचे संरक्षण आनी समर्थन करप, ही दरेकाची जापसालदारकी आशिल्ल्याचें सांगून सगळ्या संबंदीत यंत्रणांनी योगदान दिवपाची गरज उक्तायली.

गोवा शिपयार्ड लिमिटेड - 40

एके म्हत्वाच्या घडणुकेंत गोवा शिपयार्ड लिमिटेडचे अध्यक्ष आनी वेवस्थापकीय संचालक, ब्रजेश कुमार उपाध्याय हे सेगीत दुसरे खेपे, भौशीक उद्देगांच्या स्थायी परिशदेचे उपाध्यक्ष म्हणून, परतून वेंचून आयल्यात.

आयपीएल क्रिकेट -

आयपीएल क्रिकेटांत काल रातीं, चेन्नयच्या एमए चिदंबरम स्टेडियमांत, रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरून, चेन्नय सुपर किंग्साक 50 धांवड्यांनी हारयलो.

**आनी ईतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे' मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें' आयज सांजे 7 वरा वीस मिनटांचेर. नमस्कार**